Panaji National 9th January 2026 8.40am

भारतान 'मेक इन इंडिया' आनी 'मेड फॉर द वर्ल्ड' या भावनेचे प्रतिबिंब आशिल्ले एक आगळेवेगळे कृत्रिम बुद्धिमत्ता (एआय) मॉडेल जगासमोर सादर करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग २०२६ ची दुसरी आवृत्ती आयज सावन नवी दिल्लीत सुरु जाता.

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आज 70वे अति विशिष्ठ रेल्वे सेवा पुरस्कार 2025 भेटयतले.

मलेशिया ओपन  बॅडमिंटन सर्तीत पीव्ही सिंधु आज क्वार्टर फायनलींत खेळतले.

PM Ai - 100

भारतान 'मेक इन इंडिया' आनी 'मेड फॉर द वर्ल्ड' या भावनेचे प्रतिबिंब आशिल्ले एक आगळेवेगळे कृत्रिम बुद्धिमत्ता (एआय) मॉडेल जगासमोर सादर करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तांणी नैतिक, पक्षपातमुक्त, पारदर्शक आणि माहिती गोपनीयतेच्या तत्त्वांचेर आधारित भारतीय एआय मॉडेल्स विकसित करपाचेर भर दिला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत भारतीय एआय स्टार्टअपस बरोबर गोलमेज बसकेची अध्यक्षता केली. फुडल्या म्हयन्यांत देशांत जावपी इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 पयलीं एआय फॉर ऑल: ग्लोबल इम्पॅक्ट चॅलेंज खातीर पात्र थारिल्ल्या 12 भारतीय एआय स्टार्टअपांनी गोलमेज परिशदेंत वांटो घेतलो.बसके वेळार ह्या स्टार्टअपांनी आपल्या कल्पना आणि कामाचे सादरीकरण केले.

Rajnath Singh – 60

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज आपलो संसदीय मतदारसंघ लखनौ शाराक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार सिंग शारात  सरोजनी नगर वाठारांतल्या अशोक लेलंड इलेक्ट्रीक वाहन कारखान्याचें उक्तावण करतले. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी एच.डी. कुमारस्वामीय ह्या वेळार हाजीर आसतले अशी अपेक्षा आसा. उत्तर

प्रदेश सरकारान सप्टेंबर 2023 त  अशोक लेलंड बरोबर समजिकायेची कबलात केल्ली.फक्त 14 म्हयन्यांत हो संवसारीक दर्जाचो कारखानो स्थापन जालो.

Mandviya – 115

विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग २०२६ ची दुसरी आवृत्ती आयज सावन ह्या म्हयन्याचे 12 तारीख मेरेन नवी दिल्लींत जातली. युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीया हाणी काल  नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना ही म्हायती दिली. शेनवारा, राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हांच्या हाजिरेंत औपचारीक उक्तावण सुवाळो जातलो अशे तांणी सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 12 तारखेक समारोप सुवाळ्याक हाजीर रावतले अशी माहिती तांणी दिली. ह्या काऱ्यक्रमांत देशभरांतले आनी परदेशांतले 2 हजार 500 परस चड तरणाटे वांटो घेतले अशें मांडविया हांणी सांगलें. इस्रोचे अंतराळवीर ग्रुप कॅप्टन शुभांशु शुक्ला आणि ग्रुप कॅप्टन प्रशांत नायर हे सहभागी युवकांकडेन संवाद साधतले. बायलां क्रिकेट पंगडाची कर्णधार हरमनप्रीत कौरय हे चर्चेंत वांटो घेतली अशें तांणी मुखर सांगले. Byte

Gadkari – 100

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल नवी दिल्लींत सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या येरादारी मंत्र्यांच्या वर्सुकी बसकेची येजमानकी चलयली. स्त्याची सुरक्षीतताय, प्रवासी आनी भौशीक सोयी, वेवसाय करपाक सुलभता, मोटारीचे नेम ह्या सारक्या मुखेल प्रस्नांचेर रचनात्मक विचारविनिमय जालो अशें, सोशल मिडिया पोस्टांत श्री गडकरी हांणी सांगलें. संविधाना खाला येरादारी हो समवर्ती विशय आशिल्ल्यान केंद्र आनी राज्य सरकारां मदीं लागींचो समन्वय सगळ्यांत चड म्हत्वाचो अशें मंत्र्यांनी सांगलें. अशे तरेचे नेमान संवाद धोरण सुसंगती सुनिश्चीत करता, सहकारी संघराज्य वेवस्था घटमूट करता आनी देशभरांत कार्यक्षम, सुरक्षीत आनी नागरिक केंद्रीत येरादारी उपाय उपलब्ध करून दिता अशें तांणी सांगलें.

Veer gatha – 70

प्रकल्प वीर गाथा 5.0 हातूंत सुमार एक लाख 90 हजार शाळांतल्या एक कोटी 92 लाख विद्यार्थ्यांनी सहभाग घेतला. वीर गाथा हो संरक्षण मंत्रालय आनी शिक्षण मंत्रालयाचो जोड उपक्रम.पयलेच खेपे 18 देशांतल्या 91 सीबीएसई संलग्न

शाळांतल्या 28 हजारां परस चड विद्यार्थ्यांनी हातूंत वांटो घेतला अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. राष्ट्रीय पांवड्यार 100 विजेत्यांची निवड जाल्या. राष्ट्रीय पांवड्यार वेंचून काडिल्ले हे 100 सुपर विजेते प्रजासत्ताक दिसा कर्तव्य पथाचेर जावपी परेड खाशेले सोयरे म्हणून पळयतले.

Railway – 120

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज नवी दिल्लींत 70व्या अति विशिष्ठ रेल्वे सेवा पुरस्कार 2025 खाला 100 रेल्वे अधिकाऱ्यांक पुरस्कार आनी उत्कृश्ट रेल्वे झोनांक 26 shield भेटयतले. भारतीय रेल्वेतल्या आदर्श सेवा आणि उल्लेखनीय योगदानाच्या सन्मानार्थ हे प्रतिष्ठित पुरस्कार दितात. ह्या सुवाळ्याक रेल्वे राज्यमंत्री व्ही. सोमण्णा, रेल्वे राज्यमंत्री रवनीत सिंग, रेल्वे बोर्डाचे अध्यक्ष व मुख्य कार्यकारी अधिकारी सतीश कुमार, तसेच रेल्वे बोर्डाचे सदस्य आणि वेगवेगळ्या रेल्वे झोन व उत्पादन युनिट्सचे महाव्यवस्थापक उपस्थित रावतले. महाकुंभ सारक्या मोठ्या कार्यक्रमांच्या वेळार सुरक्षीत आनी सुरळीत रेल्वे येरादारी सुनिश्चीत करपाक मुखेल भुमिका साकारिल्ल्या कर्मचाऱ्यांक ह्यो 26 shields दितले अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां.

ऑपरेशन सिंदूर वेळार कठीण परिस्थितीत अखंड रेल्वे सेवा सुनिश्चीत करून भौशीक मदत यत्नांक सुविधा दिवपी जायत्या अधिकाऱ्यांचो तांणी दिल्ल्या म्हत्वाच्या योगदाना खातीर भोवमान जातलो.

Railway reform – 50

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल रेल्वेत मोठ्या सुधारणा राबवपाचो निर्णय जाहीर केला. अंदु वर्सा एकूण ५२ सुधारणा करपाचे उद्दिष्ट आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. तांणी काल नवी दिल्लींत रेल्वे राज्यमंत्री व्ही.सोमन्ना आनी रवनीत सिंग तशेंच रेल्वे मंडळाचे अध्यक्ष आनी सीईओ सतीश कुमार आनी वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन बसका घेतली.

Sitharaman – 50

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल येता त्या केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 पयलीं नवी दिल्लींतल्या दिल्ली स्कूल ऑफ इकोनॉमिक्साच्या विद्यार्थ्यां कडेन अर्थसंकल्पपूर्व संवाद सादलो. हे बसके वेळार विद्यार्थ्यांनी कुशळटाय उदरगत, हरित उर्जा, ग्रामीण उदरगत आनी नवी अर्थवेवस्था हांचे विशीं केंद्रीय अर्थसंकल्पांत

विचारा खातीर वेगवेगळीं सुचोवण्यो मांडल्यो अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सीतारामन हांणी सांगलें.

NCB – 50

अंमली पदार्थ नियंत्रण ब्युरो (एनसीबी) ने भारत-म्यानमार सीमे लागसार नेटान कारवाई करत आंतरराष्ट्रीय अमली पदार्थ तस्करीचे एक मोठे जाळे उक्तादार हाडून 638 शाबावाच्या केसींनी लिपयल्लें 7.3 किलो उच्च दर्जाचें हेरोइन जप्त केलां. बेकायदेशीर आंतरराष्ट्रीय बाजारांत सुमार 15 कोटी रुपया मोलाच्या बेकायदेशीर माला सयत दोन वेपाऱ्यांक अटक केल्या.

Nvidia –40

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्लींत अमेरिकन तंत्रज्ञान कंपनी NVIDIAच्या पंगडाची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत वैष्णव हांणी सांगलें, भारतांत सार्वभौमिक GPU विकसित विशीं आनी DGX Spark सारकिले एज डिव्हायस तयार करपा विशीं बसकेंत चर्चा जाली.

Maha Civic polls – 130

उदरगती विशीं विरोधकांकडेन कसलोच दृष्टिकोन ना अशें महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री आनी भाजपा फुडारी देवेंद्र फडणवीस हांणी काल सांगलें. नगरपालिका वेंचणुके आदीं आयोजीत केल्ल्या टॉक शो उपरांत छत्रपती संभाजीनगरांत ते प्रसार माध्यमां कडेन उलयताले. मुख्यमंत्र्यान अहिल्यानगरांत रॅली घेतल्यो आनी नागपूरच्या नागरिकां कडेनय संवादात्मक सत्र घेतले.

मुंबय, ठाणे, पुणे, नागपूर, नासिक, छत्रपती संभाजीनगर सयत 29 महानगरपालिकां खातीरच्या मतदानाक सप्तका परस उणो काळ उरिल्ल्यान राजकी पक्ष नागरिकां मेरेन पावपाचो यत्न करतात. शिवसेनेचो फुडारी आनी उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी नवी मुंबयंत रोड शो केलो, ताचो समकक्ष आनी राष्ट्रवादी कॉंग्रेसचे अध्यक्ष अजीत पवार हांणी पिंपरी-चिंचवाड जिल्ह्यांत जायत्यो भौशीक बसका घेतल्यो. मजगती, राष्ट्रवादी कॉंग्रेस (शरदचंद्र पवार) पक्षाच्यो फुडारी सुप्रिया सुले हांणीय नवी मुंबयंत प्रचार रॅली घेतल्यो. मनसेचे अध्यक्ष राज ठाकरे आनी शिवसेना (यूबीटी) प्रमुख उद्धव ठाकरे हांणी आयतारा मुंबयच्या शिवाजी पार्कांत संयुक्त रॅली घेतले अशें जाहीर केलां.

IMD – 40

हवामान खात्यान फाल्या मेरेन बिहारात  दाट धुक्या चो  ऑरेंज अलर्ट जारी केला आहे. फाल्या मेरेन  तमिळनाडू, पुद्दुचेरी आणि कराईकलात गडगड आनी जोगला मारून उटनगराचो पावस पडपाचो  अदमास आसा. मजगतीं, आयज  उदेंत राजस्थानात सामके  दाट धुकें ाची परिस्थिती पातळपाची खूब शक्यताय आसा.

Badminton –40

मलेशिया ओपन सुपर 1000 बॅडमिंटन सर्तींत पीव्ही सिंधुन तोमोका मियाझाकीक हारोवन बायलांच्या एकोडे गटांत क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केलो. आज क्वार्टर फायनलींत पीव्ही सिंधू आनी अकाने यामागुची हांचे मजगती खेळ जातलो.

मजगतीं, चिराग शेट्टी आनी सात्विकसैराज रांकिरेड्डी हांणीय दादल्यांच्या दोट्टी गटांत क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयल्या.